# छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान नाट्य प्रवेश आनी प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन

ता. 13 फेब्रुवारी 2026

19 फेब्रुवारी 2026 दिसा फर्मागुडी-फोंडा हांगा आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्यानिमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांची  जीण आनी कार्याचेर हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन करपात येतले. ही सर्त सकाळी 9.00 वरांसावन फर्मागुडी हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जातली.

नाट्य प्रवेश सादरीकरणाखातीर चडांत चड 5 मिनटांचो वेळ मेळटलो. नाट्य प्रवेश सर्तीत जैतवंत पंगडांक पयले 10 हजार, दुसरे 7 हजार आनी तीसरे 5 हजार रूपया तशेंच दरएकी 2,000/- रूपयांची दोन उमेद वाडोवपी रोख इनामां आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले.

उपरांत आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्त जातली. सर्तीत दोन विद्यार्थ्यांक वाटो घेवपाक मेळटलो. पयली सर्तकांखातीर मुळावी फेरी जातली आनी अंतीम फेरीखातीर पाच पंगडाची निवड जातली. सर्तीच्या जैतवंतांक पयले रोख 7,500/- रूपया, दुसरे 5,000/- रूपया आनी तीसरे 3,000/- रूपया आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले. तशेंच प्रत्येकी 500/- रूपयांची दोन उमेद वाडोवपी इनामां भेटयतले.

नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीत वाटो घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्यांनी आपल्यो प्रवेशीकां ता. 17 फेब्रुवारी 2026 पयली म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालय, उद्देग भवन, पणजी गोंय हांगा सुपूर्द करपाक जाय.

चड म्हायती खातीर श्री. श्याम गांवकर, मो. नं. 9422444624, हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/127

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.